राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो

२००९२०२५ @ ७.२५ am

Ganesh 20

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे काल राती बिहारात पावले. बिहारचे मंत्री नितीन नभीन हांणी तांका विमानतळाचेर येवकार दिलो. आयज शनवारा पाटणा आनी धरभंगा हांगा तांच्यो जाहीर सभा जातल्यो.

Ganesh 110

रामा काणकोणकाराचेर जाल्ले हल्लो प्रकरणात पोलिसांनी शुक्रारा राती आनीक दोगांक अटक केली. फ्रांको डिकोस्ता आनी साईराज गोवेकार अशी अटक केल्ल्यांची नावा आसा. हल्लो प्रकरणात आता मेरेन सात जाणाक अटक केल्या. बिरेस्तारा अटक केल्या पाच संशयितांक शुक्रारा पाच दिसांचो पुलीस रिमांड न्यायालयान दिलो. पोलिसां कडल्यान योग्य दिखेन तपास सुरू आसा, अशी म्हायती पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी दिल्या.

जे हल्लो करपी आसा तांका कलम 307 लावपाचो, एनएसए कायदो लावपाचो आनी तडीपार करपाच्या शिष्टमंडळाचे मागणेचेर विचार करतले. गॅंगवॉर गोंयातल्यान काबार करपा खातीर आमी पोलिसांक पुराय मेकळीक दिल्या. पोलिस फोन ट्रॅक करपाचे मार्गार आसात आनी मास्टर मायंड बेगीनूच सापडटलो अशे मुख्लेमंत्री प्रमोद सावंत हानी सांगला byte

Sushant 50

कोंकणी भाशा मंडळाचे 2025 वर्साचे वर्सुकी पुरस्कार जाहीर केल्यात, ह्या वर्साचो मानाचो कोंकणी सेवा पुरस्कार शिवनाथ नागेशकार आनी उल्हास पै भाटीकार हांकां फावो जाला. कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार हांणी ही म्हायती दिली. भाशा मंडळाच्या 63व्या वर्धापन दिसा निमतान राजीव कला मंदिर, फोंडा हांगा जावपी खाशेल्या कार्यावळींत ह्या पुरस्कारांचे वांटप जातले.

Subhash 50

समाजांतल्या जाण्ट्यांक फावो तो मान मेळचो हे हेतून राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी 'सन्मानान जान्टे जायांत ' ही मोहीम चालीक लायल्या. देशांतल्या सगळ्या शाळांक आनी म्हाविद्यालयांक 'जाण्ट्याक मान सन्मान ' मोहिमे खाला आयोजीत केल्ल्या. ही मोहीम राज्यातल्या सगळ्या शाळांनी चालीक लावंची अशें आवाहन गोवा एस. सी. आर. टी. न केलां.

आयुर्वेद 60

23 सप्टेंबराक गोंयांतल्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेंत 10वो आयुर्वेद दीस मनयतले अशी म्हायती दितना आयुश मंत्री प्रतापराव जाधव हांणी दिल्या. भारताची पारंपारीक वैजकी पद्दत संवसारीक पांवड्यार नव्या उंचायेर पावता ही सगळ्यां खातीर अभिमानाची गजाल आसा.आयुर्वेदाचे हे दायज दरेका व्यक्ती मेरेन पावोवपाचो आनी भलायकेन भरिल्लो भारत आनी भलायकेन भरिल्लो संवसार तयार करपाक योगदान दिवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.

GST 30

the next generation जीएसटी सुधारणे अंतर्गत घरगुती इलेक्ट्रॉनिक वस्तूंवेलो जीएसटी दर कमी करून सरकारन इलेक्ट्रॉनिक्स उद्योगाखातीर व्हड थाकाय जाहीर केला. एअर कंडिशनर आणि डिशवॉशर सारख्या वस्तूंवेलो  कर दर २८ टक्क्यांवेल्यान १८ टक्क्यांपर्यंत कमी केला

DIP 110

गोंयची खरी सोबितकाय हांगाची सैमिक उदकास्रोतां, आनी समृद्ध जैवविविधतायेत आसा आनी म्हणून राज्यातल्या सैमिक उदकास्रोतांचे संरक्षण आनी संवर्धन करपा खातीर गंभीरतायेन प्रयत्न करप ही काळाची गरज आसा, ￼ शें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान पणजी जिमखाना हांगा आयोजीत केल्ल्या 'मिशन सरोवर पुर्ननिर्माण: गोंयच्या तळ्यांची पुर्नकल्पना' ह्या विशया वयल्या परिशदेच्या उक्तावण सत्रात उलयतना सांगलें.

**dip** 50

कोंकणी भाशेक न्याय वा अधिकार मेळोवन दिवपा खातीर, कोंकणी दिसाळें सुनापरान्त मुखार हाडपाक वा तयार करपा फाटल्यान म्हत्वाचो वांटो आशिल्ले, कोंकणी भाशा मंडळ आनी हेर कोंकणी संघटनां वरवीं कोंकणी अस्मिताये खातीर प्रामाणीकपणान यत्न करपी बाबली नायक आनी सुनापरान्तांत प्रशासकीय सेवा तशेंच प्रकाशक म्हणून काम करपी अजीत गुडे हांच्या मरनाचेर गोवा कोंकणी अकादेमीन दुख्ख उक्तायला.

स्पोर्ट्स 20

रणजी क्रिकेटीतले सगळे खेळ गोयच्या घरच्या मैदानार पर्वरीत कर्केत आकादेमित जातले अशे भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळान जाहीर केला हन्गामातलो पयलो खेळ १5 ते १८ ओकटोबराक जातलो

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता